

# || अथ श्रीसाईसच्चरीत || अध्याय ३३ ||

|| श्रीगणेशाय नमः || श्रीसरस्वत्यै नमः || श्रीगुरूभ्यो नमः || श्रीकुलदेवतायै नमः || श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः || श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः || आतां वंदुया संतसज्जन । पळयतकूच जांणी कृपेचे नदरेन । पातकां वतात गोबर जावन । वासना मळाचें [1]क्षालन रोखडेंच ||१|| जांणी केल्ले उपकार । जल्मोंजल्मी फेडप कुस्तार । सहज उलयले तरी तेंय हीत उपदेशपर । परम अविनाशी सूखदिणें ||२|| हें आपलें हें दुसऱ्याचें । जाणीना चित्त जांचें । भेदभाव व्याप्त संवसाराचे उठचे । मनांत उमटचे न्हय जांच्या ||३|| फाटल्या अध्यायांत जालें श्रवण । गुरू व्हडविकेचें अंश निरुपण । आतां ह्या अध्यायांत श्रोतेजन । आयकात म्हानपण बिबुतीचें ||४|| मागून मागून दक्षणा घेत । गरीब दुबळ्यांक वांटीत । उरिल्ल्यांचे भोरे विकते घेत । दाळीत राशी लांकडांच्यो ||५|| तीं लाकडां धुनीच्या होमांत । स्वता हातांनी घालीत । मेळटालो जो गोबर उपाट । बिबूत म्हणून वांटीत भक्तांक ||६|| शिरडीच्यान वतना घरा परत । लोक बाबां कडेन रजा मागत । बिबूत दिवपाची आसली पद्दत । आसा हें खबर सगल्यांक ||७|| हेंच कित्याक, बिबूत जर सांगली हाडपाक । दिली बाबांनी आज्ञा वचपाक । म्हणपाचें कळटालें भक्तांक । खुशालभरीत ते जाताले ||८|| तशेंच शिरडींत राबितो आसतना । दनपार वा सांजवेळ जाताली तेन्ना । बाबा कोणाकूच बिबूत दिनासतना । धाडटाले रित्या हातांनी ||९|| होच दीसपट्टो आसलो क्रम । पूण ते बिबुती कितें धर्म । मशिदींत धुनी [2]अविश्रम । कित्याक हो उपक्रम

---

१. धुवन वता. २. सतत.

सदांचो ॥१०॥ बिबूत दिवपा फाटलो हेत । बाबा कितें सुचयत । ह्या दिसपी सगल्या विश्वांत । गोबरूच भरला हें दवरात याद ॥११॥ कूड ही पंचभुतांचें काश्ट । भोग भोगपाक [1]अवशिश्ट । भोग सोंपतकूच पडटली [2]निचेश्ट । जातलो विस्पश्ट हो गोबर ॥१२॥ तुमची म्हजी हीच स्थिती । तिची तुमकां जावची स्मृती । दीसरात म्हाकाय जागृती । तेच खातीर बिबूत दितां हांव ॥१३॥ अखील विश्व मायेन व्याप्त । ब्रह्म सत्य ब्रह्मांड असत्य । हाची खूण ही बिबूत सत्य । निश्चीत अर्थ हो जाणात ॥१४॥ हांगा नात कोण कोणाचे । घरकान्न पूत मामा भाचे । नागडे आयल्यात नागडे वचपाचे । बिबूत ही हाचें स्मारक ॥१५॥ बिबुतीचें हे करतकूच [3]चर्चन । दुख्ख व्याधींचें जाता निरसन । मात हे बिबुतीचो सत्य अर्थ गहन । विवेकपूर्ण [4]वैराग्य ॥१६॥ दितली ती दक्षणा दिवन । मेळोवपाक प्रवृत्ती वैराग्यलक्षण । फुडें मागीर निवृत्तीची वैराग्यखूण । कळटली तुमकां सवकासायेन ॥१७॥ मेळ्ळें जरी वैराग्य हाताक । विवेक जरी नासलो सांगाताक । तरीय मेळटलें तें [5]मातयेक । म्हणून बिबुतीचो आदर करात ॥१८॥ विवेक-वैराग्याची जोड । तीच ही बिबूत-दक्षणेची सांगड । बांदले बगर संवसार न्हंयेची तड । भोव कुस्तार गांठपाक ॥१९॥ ल्हान व्हड येताले दर्शनाक । जाताले चरणांचेर नतमस्तक । जेन्ना आज्ञा मागताले वचपाक । बिबूत तांकां दिताले बाबा ॥२०॥ धुनी सदांची मशिदींत । पेट्टाली अखंड दीसरात । तातूंतली मूठ मूठ दिवन बिबूत । धाडटाले बाबा तांकां ॥२१॥ प्रसाद म्हणून बिबूत दीत । बोटान तांच्या कपलाक लायत । तोच हात तकलेर दवरीत । दिताले आशिर्वाद कल्याणाचो ॥२२॥ रक्षा उदी आनी बिबूत । उतरां तीन अर्थ एकूच । होच प्रसाद अमर्याद नित्य । बाबा अखंड वांट्टाले ॥२३॥ संवसार हो उदीसमान । हें एक हे उदीचें महिमान । येतलो असो एक

---

१. बाकी, उरिल्ले. २. बेशुद्ध. ३. आंगाक लायतकूच. ४. विरक्तपण, प्रपंचा विशीं आसक्ती नासप. ५. माती जातली.

[1]दिन । दवरात उगडास हो मनांत ॥२४॥ कमल दल उदकासमान । नाशवंत हो देह जातलो पतन । म्हणून धरूं नाकात हाचो अभिमान । दाखयताले हें उदी दिवन ॥२५॥ पसारो हो पुराय विश्वाचो । राखे भशेन आसा मानचो । जग हें खोटें, विचार करात हाचो । सत्य तत्वाक थारो बिबुतींत ॥२६॥ बिबूत म्हणल्यार फकत माती । नामरुपाची निमाणी गती । वाचारंभण विकार जगतीं । मातयेक प्रचिती सत्य तत्वांत ॥२७॥ बाबा केन्नाय खोसयेंत आसतना । आयकलां गाणें गायतना । तातूंतल्यो वळी उदी संबंदान । आयकात आदरान श्रोत्यांनो ॥२८॥ ''रमते राम आयोजी आयोजी । उदियां की गोनियां लायोजी'' ॥धु.॥ लागतकूच मनाची लहर । जावन भोव हर्षनिर्भर । इतलेंच धृपद वयलेवयर । म्होंवाळ आवाजान गायताले ॥२९॥ सारांश, ही बाबांची धुनी । तिणें भरल्यो बिबुतीच्यो [2]गोणी । मेजपाक ना समर्थ कोणी । परम कल्याणी बिबूत ही ॥३०॥ आयकून बिबुतीदानाचो गहन अर्थ । तसोच परमार्थ आनी भावार्थ । विचारताले श्रोते शुद्ध सुवार्थ । [3]योगक्षेम अर्थ बिबुतीचो ॥३१॥ बिबुतीचो होय एक गूण । महती कशी वाडत हाचे वीण । साई परमार्थमार्गाचे [4]धुरीण । सुवार्थ सादून दिताले परमार्थ ॥३२॥ हे बिबुतीच्यो योगक्षेम कथा । असंख्यात सांगूं येता । पूण त्यो फकत संकलितूच सांगतां । टाळपाक विस्तार ग्रंथाचो ॥३३॥ एकदां नारायण मोतीराम । जानी हें जांचें आडनांव । ब्राह्मण औदीच्य ग्रहस्थाश्रम । घर तांचें नासकाक ॥३४॥ तशेच बाबांचे आनीक भक्त । नांव रामचंद्र वामन मोडक । हे नारायणराव तांचे सेवक । भक्त भावीक बाबांचे ॥३५॥ वांगडा घेवन आवयक आपले । बाबा जेन्ना देहधारी आसले । नारायणराव शिरडीक गेले । दर्शनाक बाबांच्या ॥३६॥ तेन्नाच बाबांनी तांचे आवयक । स्वताच आदींच सुचयिल्लें आनीक । आतां हांगाच्यान आमचो

१. दीस. २. साक. ३. निर्वाह. ४. फुडारी.

कांय एक । उरूंक ना संबंद सेवाधर्माचो ।।३७।। पुरो आतां ही ताबेदारी करप । धंदो बरो हाचे परस स्वतंत्र । फुडें मागीर वतकूच थोडो तेंप । आयली दया भगवंताक ।।३८।। सुटली नोकरी पराधीनताय । आवडपाक लागली स्वतंत्रताय । जेवण वसतीगृह–वेवस्थाय । स्थापन केली स्वसत्ता थंयच ।।३९।। नांव दवरलें 'आनंदाश्रम' । तातुंतूच केले परिश्रम । दिसानदीस वाडलें नाम । मेळ्ळो सुसेग चित्ताक ।।४०।। पळोवन अशी गजाल घडिल्ली । निश्ठा साई चरणांचेर वाडली । मागीर ती दृढभक्तीस्वरुपा चडली । अणभवान पटली अढळटाय ।।४१।। सत्य जाली साईंची वाणी । आयकुप्यां खातीर जाली काणी । प्रेम वाडलें साईचरणीं । अघटीत करणी श्रीसाईंची ।।४२।। उलोवप सगलें प्रथमपुरुशीं । मात तें सदांच दुसऱ्यां विशीं । लक्ष दवरून पळोवप्या पाशीं । अणभव हो दीसरात ।।४३।। फुडें जसो जसो अणभव । वाडलें भक्ती प्रेम वैभव । आनीक एक तांचो अभिनव । भक्तीभाव आयकात ।।४४।। आसूं, असोच एकदां अचकीत । नारायणरावांच्या इश्टाक । डंख मारलो विंचवान एक । सणसण मारून तळमळ्ळो ।।४५।। डंख मारला थंय लावपाक । बाबांची उदी भोव उपेगाक । पूण गेले जेन्ना सोदपाक । मेळना जाली कशीच ।।४६।। इश्टाक सोंसनासले सणसण । उदी मेळना कशीच सोदून । घेवन बाबांच्या फोट्याचें दर्शन । मारलो उलो तांकां ।।४७।। मागीर थंयच त्या फोट्याच्या मुळांत । पेटून सोंपिल्ली एक उजवात । पडिल्लो तिचो पिठो बरोच । उदीच कसो तो दिसलो ।।४८।। घेवन एक चिमटी तातूंतली । डंख मारिल्लो थंय लायली । साईनाममंत्र म्हणून फूक मारली । अपार श्रद्धा भावनेन ।।४९।। आयकल्यार दिसतलें अजाप । पिठो तो लायना फुडेंच । सोंपल्यो [1]वेदना

१. अशेच बाबतींत रा. हरी सीताराम दीक्षित हांणी बरोवन दवरिल्लो अणभव - एकदां बापूसाहेब जोगांक विंचू चाबलो. तेन्ना रातचीं सुमार आठ वरां जाल्लीं. ते बेगोबेग म्हाराजां कडेन गेले. ते सोंपणां चडटात तें पळोवन म्हाराजांनी म्हणलें, ''बापूसाहेब कितें जालां?''

(फुडल्या पानाचेर)

थंयचे थंयच । उमाळो प्रेमाचो दोगांकूय ।।५०।। ही तरी उजवातीची बिबूत । लायिल्ली त्या पिडेस्ताक । मार्गा वयले मातयेचो पसून एकल्याक । आयलो अणभव असोच ।।५१।। मातये भशेन तिचो संसर्ग । जाका जालां दुखणें रोग । ताचे बगर हेरांचेर प्रयोग । केल्यारूय उपयोग घडटालो ।।५२।। एकदां एका भक्ताचे धुवेक । जालें दुयेंस पोटाक । कळ्ळी ही खबर बापायक । जालो भोव दुखेस्त ।।५३।। बापूय रावतालो वांद्रें शारांत । धूव पयस दुसऱ्या गांवांत । उदी दवरिल्ली नासली घरांत । धाडलो रेकाद नानांक ।।५४।। बाबांची तुमी प्रार्थना करात । म्हजो हुसको पयस कर म्हणात । [1]चांदोरकरांक अशी विनंती करीत । म्हणलें उदी धाडात प्रसादाची ।।५५।। रेकाद घेवन वचप्याक । नानाय मेळ्ळे वाटेक । वताले ते कल्याणाक । घरकान्नी वांगडा तेन्ना ।।५६।। ठाणें शार स्टेशना कडेन । नानांक रेकाद दिलो ताणें । उदी तेन्ना नासली तांचे कडेन । घेतली माती रस्त्या वयली ।।५७।। थंयच रस्त्यार उबे रावून । गाराणें साईसमर्थांक घालून । घरकान्नीच्या माथ्याक फाटल्यान वळून । लायली चिमूट प्रत्यक्षांत ।।५८।। हे वटेन तो भक्त उठलो । धूव आसली त्या गांवांत गेलो । थंय ताका जो [2]वृत्तांत कळ्ळो । अजापलो आयकून बरोच ।।५९।। धुवेक

---

(**फाटल्या पाना वयल्यान**) बापूसाहेबांनी सांगलें, ''बाबा, म्हाका विंचू चाबलो.'' म्हाराजांनी म्हणलें, ''बरें दिसतलें चल!'' बापूसाहेब तशेच सोंपणां वयल्यान परत गेले, ते दुरगा भायर पावना फुडेंच सणसण आपसूक बंद जाले.

शिरडीक एक अघोरी कला साध्य करून घेतिल्ले ज्योतिशीबुवा गेल्ले. ते म्हाराजांच्या दर्शनाक गेले. पूण तांची नदर पयशांचेर बरीच आसली. मात थंय पयशे मेळपाची शक्यताय उणी अशें तांकां दिसलें. म्हणून ते दर्शन घेवन रोखडेच राहत्याक गेले. थंय रातीं तांकां विंचू चाबलो. सामके सणसण मारपाक लागले. तेन्ना तांणी म्हाराजांनी दिल्ली बिबूत लायली आनी एकसारकें म्हाराजांचें नामस्मरण केलें. ताका लागून सणसण थांबले. तातूंतल्यान तांची म्हाराजांचेर श्रद्धा वाडली. दुसऱ्या दिसा ते परत शिरडीक गेले. उपरांत थंय पंदरा-वीस दीस रावले. म्हाराजांचे कृपेन तांकां थंय सुमार 300 रुपया जोड मेळ्ळी. **१.** नारायण गोविंद चांदोरकर. २. खबर.

तीन दीस जोर । आयिल्लो बरोच खर । जाम जाल्ली तो काडून आंगार । कालूच मेळिल्लो सुसेग मात्सो ॥६०॥ हो वेळूय तोच आसलो । नानांनी मारून साईंक उलो । उदी म्हणून लायिल्लो मातयेचो तिबो । मेळिल्लो सुसेग तेन्नाच्यानूच ॥६१॥ आसूं, त्या दुखण्याचें कथन । योग्य वेळार विस्तारान । फुडेंफाटीं येतलें आख्यानान । देख ही उदी पुरतीच ॥६२॥ हेच प्रेमळ चांदोरकर । आसले जेन्ना जामनेराक मामलेदार । साई भक्तांच्या कल्याणाक तत्पर । करताले चमत्कार ते आयकात ॥६३॥ उदीचो हे महिमा अपार । श्रोत्यांनो जायात आयकुपाक तयार । सांगतां हो दुसरो चमत्कार । दिसतलें व्हड अजाप ॥६४॥ गुरवारपणांत नानांचे धुवेक । जायनासले त्रास सोंसपाक । जामनेरच्यान साईसमर्थांक । मारतालीं उलो सगलींच ॥६५॥ जामनेरचो हो प्रकार । शिरडींत नासलो कोणाक खबर । बाबा सर्वज्ञानी भक्ततत्पर । ते नकळो अशें ना कितेंच ॥६६॥ बाबांक भक्तांची एकात्मता । जाणून नानांचे थंयची अवस्था । समर्थ साई विरगळ्ळे चित्ता । केलें प्रत्यक्षांत कितें पळयात ॥६७॥ उदी धाडची आयलें मनांत । तेन्नाच गोसावी रामगीरबुवांक अचकीत । इत्सा जाली खर मनांत । वचपाची गांवांत आपल्या ॥६८॥ वचपाक खानदेशी गांवाक । लागले नेटान तयारेक । गेले बाबांच्या दर्शनाक । आज्ञा मागपाक मशिदींत ॥६९॥ बाबा देहधारी आसतना । तांच्या पांयां पडनासतना । कोणूच कसल्याच कार्याक केन्ना । वचनासले आज्ञा घेतले बगर ॥७०॥ आसूं लग्न वा मुजी बंधन । मंगलकार्य विधिविधान । कार्य कारण वा प्रयोजन । लागतालें अनुमोदन बाबांचें ॥७१॥ बाबांची आज्ञा मेळयले बगर । आशिर्वाद तांचो घेतले बगर । जावचें ना कार्य सूखकर । भावना पूर्ण सगल्यांची ॥७२॥ आसूं, अशी त्या गांवची रीत । म्हणुनूच बुवा रामगीर येत । पांयांक बाबांच्या लागत । आज्ञा मागीत वचपाची ॥७३॥ म्हणलें, बाबा वचूंक सोदतां गांवांक । म्हणून आयलां दर्शनाक । दियात उदी आज्ञा वचपाक । केलो तांणी

नमस्कार ॥७४॥ तांचे विशीं बाबांक प्रेमभाव । दवरिल्लें 'बापूगीर' अशें नांव । म्हणलें वाटेर घे थोडो विसव । आनी सुसेगाद वच मुखार ॥७५॥ वच पयलीं जामनेराक । थंय वचून मेळ नानांक । विचार तांचे खबर खुशालेक । मागीर लाग वाटेक फुडले ॥७६॥ म्हणलें माधवराव देशपांडेक । दी रे बरोवन कागदाचेर एक । शामा ती अडकराची आरत एक । गोसाव्या कडेन नाना खातीर ॥७७॥ मागीर गोसाव्याक उदी दिवन । आनीक थोडी पुडयेंत बांदून । पुडी ती उपरांत ताचे कडल्यान । धाडली बाबांनी नानांक ॥७८॥ सांगलें ''ही पुडी आनी आरत । व्हरून दी नानांच्या हातांत । विचार तांची खबरबात । मागीर वच तुज्या गांवाक'' ॥७९॥ जशी रामाजनार्दन कृत । ''आरती ज्ञानराजा'' ही आरत । ''आरती साईबाबा'' हीय तशीच । स्थिती सारकीच दोगांयची ॥८०॥ रामाजनार्दन जनार्दनाचे भक्त । माधव अडकर साईचरणीं [१]अंकीत । रचना प्रसादपूर्ण अत्यंत । भजन अपूर्ण तिचे बगर ॥८१॥ आसूं, ही बाबांची आवडटी । श्रोत्यांनो आयकात पुराय आरती । बिबुती वांगडा बाबांनी धाडली । दिसतली फलश्रुती मुखार ॥८२॥

## (आरत)

आरती साईबाबा । सौख्य दातारा जीवा । चरणरजातळीं । द्यावा दासां विसांवा । भक्तां विसांवा ॥ आरती ॥ध्रु०॥
जाळुनियां [२]अनंग । स्वस्वरूपीं राहे दंग । [३]मुमुक्षु जना दावी । निजडोळां श्रीरंग । डोळां श्रीरंग ॥ आरती ॥१॥
जया मनीं जैसा भाव । तया तैसा अनुभव । दाविसी दयाघना । ऐसी तुझी ही माव । तुझी ही माव ॥ आरती ॥२॥
तुमचें नाम ध्यातां । हरे संसृतिव्यथा । अगाध तव करणी । मार्ग दाविसी अनाथा । दाविसी अनाथा ॥ आरती ॥३॥

---

१. वश. २. मदन. ३. मोक्षाची इत्सा धरपी.

कलियुगीं अवतार । सगुण ब्रह्म साचार । अवतीर्ण जाहलासे । स्वामी दत्तदिगंबर । दत्तदिगंबर ॥ आरती ॥४॥
आठां दिवसां गुरूवारीं । भक्त करिती वारी । प्रभुपद पहावया । भवभय निवारी । भय निवारी ॥ आरती ॥५॥
माझा निज द्रव्यठेवा । तव चरणरजसेवा । मागणें हेंचि आतां । तुम्हां देवाधिदेवा । देवाधिदेवा ॥ आरती ॥६॥

इच्छित दीन चातक । निर्मळ तोय निजमुख । पाजावें माधवा या । सांभाळा आपुली ही भाक । आपुली ही भाक ॥ आरती ॥ म्हणलें बाबांक गोसाव्यान । आसात फकत रुपया दोन । पावतलों कसो हांव तातूंतल्यान । बाबा वचून जामनेरांत ॥८३॥ बाबांनी म्हणलें ''चल सुसेगाद आतां । जातली तुजी सगली वेवस्था'' । विस्वास दवरून साईंच्या चरणां । लागलो गोसावी वाटेक ॥८४॥ मेळोवन आज्ञा बापूगीर । घेवन असो बाबांचो विचार । उदीप्रसाद पावोवन सत्वर । सरलो भायर वचपाक ॥८५॥ जामनेराक तेन्ना आतां असलो । रेल्वेचो रस्तो नासलो । वा पर्यायूय येरादारीचो हेर कसलो । जालो हुसको गोसाव्याक ॥८६॥ गेले बसून रेल्वेंत । प्रवासी देंवले जळगांवांत । थंयच्यान फुडलो मार्ग समस्त । वच्चो पडटालो चलून ॥८७॥ एक रुपया चवदा आणे । जालें रेल्वेचें भाडें । उरले फकत दोन आणे । वचप कशें मुखार ॥८८॥ असो गोसावी खर हुसक्यांत । आसतना जळगांव स्टेशनांत । तिकेट दिवन भायर जो येत । दिसलो पयस शिपाय एक ॥८९॥ शिपाय आदींच सोद मोहिमेर । ज्युस्त येवन गोसाव्या मुखार । विचारी तुमीच व्हय बापूगीर । वळखतात व्हय तुमी ताका ॥९०॥ शिपायाची त्या घेवप खबर । आसा आपलेच खातीर । वळखून गोसाव्यान येवन मुखार । दाखयली वळख ताका आपली ॥९१॥ ताणें म्हणलें तुकाच लागून । धाडला म्हाका चांदोरकरान । चल बेगीन बस टांग्यांत वचून । पळयतात वाट ते उमळशिकेन ॥९२॥ बुवांक प्रेमाचो आयलो

उमाळो । नानांक शिरडीच्यान निरोप गेलो । तरीच हो टांगो वेळार आयलो । टळ्ळो हुसको व्हड ॥९३॥ शिपाय दिसलो बरोच हुशार । खाड मिशयो कल्लेदार । नीट नेटकी न्हेशिल्लो [1]इजार । टांगोय ताचो सोबीत ॥९४॥ जसो टांगो घोडेय तशेच । ते कितें आसले भाड्याचे थोडेच । वताले हेर टांग्यांच्या फुडेंच । उमळशिकेचे ओडीन कार्याचे ॥९५॥ जातकूच बारा वरां रातीन । टांगो जो सुटलो नेटान । थांबयलो फांतोडेर व्हरून । व्हाळा कडेन वाटेक ॥९६॥ तेन्ना त्या टांगेवाल्यान । घोड्यांक [2]घाले सोडून । म्हणलें रोखडोच येतां वचून । करुया फराळ रुचीक ॥९७॥ वचून उदक हाडटां थोडें । खावया आमी आंबे पेढे । आनी गुळपापडीचे कुडके । बांदून घोडे वचुया मागीर ॥९८॥ खाड भेस मुसलमानी पळोवन । वेगळीं ताचीं उतरां आयकून । रामगीर दुबावलो मनांतल्यान । फराळ हो कोणें करपाचो ॥९९॥ म्हणून ताका विचारली जात । म्हणलें तूं कित्याक जालो दुबावीत । हांव हिंदू गरवाल क्षत्रीयपूत । आसां रजपूत जातीचो ॥१००॥ फराळूय हो दिला नानान । तुजे खातीर म्हजे कडेन । दुबाव धरूं नाका मात्त पसून । खा तूं हुसक्या मेकळो ॥१०१॥ असो जेन्ना विस्वास पटलो । दोगांयनी मागीर फराळ केलो । उपरांत ताणें टांगो जोडलो । प्रवास सोंपलो सांजवेळार ॥१०२॥ टांगो पावतकूच गांवा भितर । दिसलें नानांचें कार्यालय घर । घोडेय थांबले खीणभर । रामगीर धादोसलो मनांत ॥१०३॥ बुवांक जालें मुतूंक । म्हणून गेले थंयच कडेक । परत आयले खिणांत एक । जाल्यार घडिल्लें अजाप थंय ॥१०४॥ घोडेय ना टांगोय नासलो । टांगेवालोय तो नाच्च जाल्लो । जाग्यार त्या कोणूच नासलो । दिसलो उकतो जागो सगलो ॥१०५॥ पडलो विचारांत रामगीर । कसलो तरी हो चमत्कार । हाडून म्हाका असो हांगा सर । खंय तरी हो गेलो आसुंये ॥१०६॥ नानांक कार्यालयांत

१. पिजाम. २. उदक पियेवंक.

मेळपाची बुवांक । लागिल्ली भोव उमळशीक । पूण ते तर गेल्ले घरा वचपाक । म्हणून लागले वाटेक तांच्या घराचे ॥१०७॥ बुवा वाटेन विचारीत चलिल्लो । सहज नानांचो नामो कळ्ळो । घराच्या व्हारांदांत वचून बसलो । आपयलो भितर नानांनी ॥१०८॥ दोगांयची जेन्ना भेट जाली । बिबूत आरती भायर काडली । नानां मुखार दवरली । सांगली खबर पुराय ॥१०९॥ अजाप जेन्ना ही उदी पावली । त्याच वेळार धूव नानांची । बाळंटेरा खातीर अडिल्ली । तळमळटाली वेदनांनी बरीच ॥११०॥ जावपाक तें संकश्ट निरसन । चलयिल्लें तांणी नवचंडी हवन । पळोवन सप्तशतीपाठ पठण । जालो अजापीत गोसावी ॥१११॥ जशें भुकेल्ल्याक अचकीत । पक्वान्नांचें मेळचें ताट । वा चकोराच्या मुखांत अमृत । तशेंच तेन्ना दिसलें नानांक ॥११२॥ आपोवन हाडली घरकान्नीक । दिली उदी पियेवंक । स्वता आरती म्हणपाक । केलो आरंभ नानांनी ॥११३॥ वेळ थोडो गेलो ना गेलो । भितरल्यान निरोप आयलो । ओंठांक लायतकूच बिबुतीचो पेलो । दिसलो सुसेग धुवेक ॥११४॥ तत्काळ त्रासांतल्यान सुटका जाली । सूखरूप ती बाळंत जाली । सुखान हातांपांयांनी सुटली । सोंपलो हुसको सगल्यांचो ॥११५॥ टांगेवालो खंय गेलो । हांगाय ना तो म्हाका दिसलो । रामगीरान नानांक प्रस्न केलो । टांगो धाडिल्लो तो आसा खंय ॥११६॥ नानांनी म्हणलें धाडूंक ना हांवेंन । खंयचो टांगो आयिल्लो कोण । तुमी येतले हें जाणा आसलो कोण । टांगो कित्याक हांव धाडटलों ॥११७॥ मागीर बुवांनी टांग्याची कथा । पुरायेन सांगली समेस्तां । अजाप दिसलें नानांच्या चित्ता । पळोवन वत्सलताय बाबांची ॥११८॥ खंयचो टांगो खंयचो शिपाय । नट नाटकी ही माउली साई । संकश्टा वेळार धांवत येई । भक्ती खातीर भक्तांचे ॥११९॥ आसूं, आतां कथा आख्यान । फुडें चलोवया फाटलें कथन । फुडें कांय काळा उपरांत । बाबाय निर्वाण पावले ॥१२०॥ वर्स एकुणीसशें अठराचो दसरो । विजयादशमीचो दीस बरो ।

साधून बाबांनी हो म्हूर्त खरो । ओंपलो निजदेह धरतरेक ।।१२१।। मागीर जाली समाधी । नारायणरावांनी ताचे आदीं । बाबा तेन्ना देहधारी । दर्शन घेतलें दोन फावटीं ।।१२२।। समाधीक जाले तीन संवत्सर । दर्शनाची इत्सा जरी प्रखर । पूण मेळनासलो योग्य [1]अवसर । तातूंतल्यान उमळशीक वाडिल्ली ।।१२३।। समाधी घेवन वर्स जालें । नारायणरावांक दुयेंसांनी पिडले । वखदां उपचार सगले सोंपले । उपाय थकले लोकिकांतले ।।१२४।। गेल्ले जरी व्याधींनी भरून । तरीय मुखांत साईंचेंच ध्यान । गुरूरायांक खंयचें मरण । दिलें दर्शन नारायणाक ।।१२५।। एके राती पडलें सपन । साई एका भुंयारांतल्यान । नारायणरावां सरेन येवन । दिताले आस्वासन तांकां ।।१२६।। हुसको धरूं नाका कसलोच । गूण पडटलो फाल्यांच्यानूच । एक सप्तक सोंपना फुडेंच । बसतलो उठून तूं स्वताच ।।१२७।। आसूं, मागीर आठ दीस सोंपले । उतरान उतर सत्यांत आयलें । नारायणराव उठून बसले । मनांत धादोसले उपाट ।।१२८।। अशेच वतकूच कांय दीस आनीक । आयले नारायणराव शिरडीक । समाधीच्या दर्शनाक । तेन्ना हो अणभव सांगलो ।।१२९।। देहधारी म्हणून जगत । समाधिस्त जे, ते कसले मरत । साई जल्ममरणातीत । सदा अखंडीत स्थिरचरीं ।।१३०।। उजो जसो लांकडांत लिपता । दिसना तरीय भितर आसता । घांसतकूच रोखडोच पेट्टा । तसोच भक्तां खातीर हो साई ।।१३१।। एकदां जाणें प्रेमान पळयलो । ताचो जीणभराचो गुलाम जालो । फकत एकरूप प्रेमाचो भुकेलो । ताच्या उल्याक येता धांवून ।।१३२।। लागना ताका थळ वा काळ । उबे निरंतर सदांकाळ । खंयची खंयच्यान दामीत कळ । करणी अकळ तांची ।।१३३।। अशी कितें तरी करतले रचना । मनांत येतले दुबाव नाना । तेन्ना तेन्ना नदर दवरतकूच चरणां । ध्यानधारणा वाडटली ।।१३४।। अशें जातकूच एकाग्र मन । जातलें अत्यंत

१. वेळ, संद.

साईचिंतन । हेंच हो साई घेता करून । कार्यूय वता जावन निर्विघ्न ॥१३५॥ वेव्हार लागनात सोडपाक । सुट्टली आस आपसूक । असो हो लायतकूच अभ्यास मनाक । कार्यूय घडटलें असुदाय ॥१३६॥ कर्मभुंयेर आयला म्हणटकूच देह । कर्मां घडटलीं दुबावा विरयत । घरकान्न पूत घर आनी वित्त । उपाट दान जावचें कित्याक ॥१३७॥ घडपाचें तें घडूं दी उपाट । सद्‌गुरूचिंतन आमचें हीत । संकल्प विकल्प जातले नश्ट । वाडिल्लीं पापां टळटलीं ॥१३८॥ पळोवन भक्तांचो भाव । कशे साई महानुभाव । दाखयताले भक्तांक एकेक अणभव । वाडयताले वैभव भक्तीचें ॥१३९॥ मनाक येत तसो भेस करीत । मेळत थंय प्रगट जायत । भक्तकल्याणा खातीर खंयूय भोंवत । शिश्य भावार्थी आसूंक जाय ॥१४०॥ ह्या अर्थाची आनीक कथा । श्रोत्यांनो आदरान आयकात आतां । संत आपल्या भक्तांच्या हिता । खातीर कशे वावुरतात दीसरात ॥१४१॥ उगडून कानांचीं कवडां । काळजाच्या देवळाचीं उगडात दारां । पियेयात मनसोक्त ह्या कथा सारा । जातलो संवसार संकश्टांचो नाश ॥१४२॥ हें जें सध्याचें सोंपलें गाजिल्लें । झूज जर्मन देशीयां कडलें । लश्कर करपाक सिद्ध जालें । दुस्माना आड लढाय ॥१४३॥ इंग्रजांचे राज्याधिकारी । हे भारत भुंये भितरीं । लश्करभरती [1]शारोशारीं । करीत आसले सगल्याक ॥१४४॥ एकुणीसशें सतरा सालांत । एका भक्ताचो वेळ येत । नेमणूक जाली ठाणें जिल्ल्यांत । घडलो प्रकार अशे तरेन ॥१४५॥ आप्पासाहेब कुलकर्णी नांव । बसलो ताचो साईचरणीं [2]भाव । होय आसलो साईंचो एक प्रभाव । लिला तांची अगाध ॥१४६॥ तांकां बऱ्याच वर्सां पयलीं । बाळासाहेब भाटच्यांनी दिल्ली । पुजेक तांणी ती लायिल्ली । [3]छबी एक बाबांची ॥१४७॥ कायेन वाचेन मनान । मेळिल्लीं गंध फुलां घालून । नेमान त्या फोटयाचें पुजन । निवेद्य ओंपून

---

१. शाराशारांत. २. श्रद्धा. ३. फोटू.

करताले ॥१४८॥ सोंपतले केन्ना कर्मभोग । जातलें केन्ना मना योग्य । साई प्रत्यक्ष दर्शनयोग । आप्पांक दुयेंस जालें काळजाचें ॥१४९॥ श्रीसाईंच्या फोट्याचें दर्शन । तेंय प्रत्यक्ष दर्शना समान । श्रद्धा मात आसची पूर्ण । येतलो अणभव ज्युस्त वेळार ॥१५०॥ फकत फोट्याचें दर्शन पसून । जाता प्रत्यक्ष दर्शना भशेन । आयकात श्रोत्यांनो आदरान । सार्थताय हे विर्शीची एक ॥१५१॥ एकदां बाळाबुवा सुतार । मुंबयचे भजनी कलाकार । आधुनीक तुकाराम–नामधर । गेले दर्शना खातीर शिरडीक ॥१५२॥ हीच तांची भेट पयली । आदीं केन्नाच घडूंक नासली । दोगांयची नदरेक नदर जाली । साईन तेन्ना सांगलें स्पश्ट ॥१५३॥ चार वर्सांच्यान पळयतां । म्हाका हाची वळख आसा । बाळाबुवा आयकून अजापता । उलयतात हे अशे कित्याक ॥१५४॥ बाबांनी ना शिरडी सोडली । हांवेंय दोळ्यांनी आयजूच पळयली । अशा म्हजे कडेन चार वर्सां पयलीं । वळख जाली हें कशें ॥१५५॥ असो करतां करतां विचार । चारूच वर्सां आदली खबर । बाबांच्या फोट्याक केल्लो नमस्कार । उगडास ताचो जालो बुवांक ॥१५६॥ मागीर त्या उतरांची अन्वर्थताय । पटली तत्वतां बाळाबुवांकूय । म्हणलें पळयात संतांची व्यापकताय । भक्तावत्सलताय ही तांची ॥१५७॥ हांवें फकत फोटू नमस्कारिल्लो । प्रत्यक्ष फुड्यांत आयज पळयलो । बाबांनी ज्युस्त उगडास धरलो । म्हाका पडिल्लो विसर केन्नाच ॥१५८॥ विसरिल्लों म्हणपूय न्हय सार्थ । कारण तत्काळ कळना उलोवपाचो अर्थ । फोटू नमस्कारांतल्यान वळख हो पदार्थ । जाणपाक समर्थ नासलों हांव ॥१५९॥ म्हजी वळख बाबांक खबर । म्हाका पडिल्लो सामको विसर । संतांचेर जेन्ना पडची नदर । तेन्नाच दिवची तांणी याद करून ॥१६०॥ निर्मळ हारसो, निर्मळ उदक । तेन्ना रुपाचें प्रतिरूप देख । फोटू हेंय प्रतिरुपूच एक । शुद्ध चिन्न रुपाचें ॥१६१॥ म्हणून संतांच्या फोट्याचें दर्शन । आसा प्रत्यक्ष दर्शना भशेन । सगलें जाणपी संतांची

[१]जाण । तीच ही शिकवण सगल्यांक ॥१६२॥ आसूं, आतां फाटली कथा । आयकुपाक सावधानता । आसची श्रोत्यांच्या चित्ता । दवरची गोडी आख्यानाची ॥१६३॥ रावताले आप्पा ठाणें शारांत । आयली भिवंडीच्या कामाची संद । येतां म्हूण आठ दिसांनी परत । सरले भायर सांगून ॥१६४॥ दोनूच दीस जाल्ले गेल्यार । फाटल्यान घडलो आगळोच प्रकार । दारांत आयलो एक फकीर । तांच्या घरा कडेन ठाण्यांत ॥१६५॥ जातकूच तांचे नदरेक नदर । सगल्यांक दिसले जशे साईच मुखार । फोट्यांत दिसपी तो होच परमेश्वर । सगल्या आंगांनी सारको ॥१६६॥ घरकान्नीचे आनी भुरग्यांचे । दोळे फकिराचेर सगल्यांचे । अजापले सगले आकांताचे । दिसलें बाबाच आयले ॥१६७॥ आदीं नासलें प्रत्यक्ष दर्शन । तरीय फोट्यांतल्या चित्रा वयल्यान । हेच ते बाबा अशें ताडून । वाडली तांची उमळशीक ॥१६८॥ साई शिरडीचे तेच व्हय तुमी । केलो फकिराक प्रस्न सगल्यांनी । तेन्ना जें कितें सांगलें तांणी । आयकात आदरान श्रोत्यांनो ॥१६९॥ स्वता हांव न्हय साई खरो । हांव तर आज्ञाधारी सेवक तांचो । दिवंक नियाळ तुमचे खुशाली खबरेचो । आयलां तांचेच आज्ञेन ॥१७०॥ फुडें तो मागपाक लागतकूच दक्षणा । भुरग्यांचे आवयन केली [२]संभावना । दिलो रुपया एक त्याच खिणा । ताणेंय मागीर दिली उदी ॥१७१॥ दिली साईबाबांची बिबूत । पुडयेंत बांदून तिच्या हातांत । म्हणलें दवर फोट्याच्या फुड्यांत । मेळटलें सूख सगल्यांक ॥१७२॥ असो कार्यभार सोंपोवन आपलो । ''साई वाट पळयत आसतलो'' । अशें म्हणून वाटेक लागलो । घेवन तांचो निरोप ॥१७३॥ मागीर तो थंयच्यान जो सरलो । आयिल्ले वाटेन चलत गेलो । हेवटेन जो प्रकार घडलो । लिला आगळी श्रीसाईंची ॥१७४॥ आप्पासाहेब जे भिवंडीक गेल्ले । अर्देच वाटे वयल्यान परतले ।

१. जाणीव. २. योग्य भोवमान.

घोडे टांग्याचे दुर्येंत पडले । म्हणून वचपाचें केलें रद्द ॥१७५॥ मागीर ते दनपारां ठाण्याक आयले । घडिल्लें वृत्त सगलें कळ्ळें । मनांतल्यान सामकेच चुरचुरले । मेळ्ळेंना म्हणून दर्शन ॥१७६॥ दक्षणा फकत रुपयाच दिली । लज तांच्या मनाक दिसली । आपूण जाल्यार धां परस उणी । दिवचो नासलों कसोच ॥१७७॥ अशें आप्पासाहेबान म्हणलें । मन निरशेणेन भरून आयलें । फकीर घडये मशिदींत मेळटले । चिंतून सरले भायर उपाशींच ॥१७८॥ मशीद, [1]तकिया जंय जंय । प्रवाशी देंवतात थंय थंय । जागो सोडलो ना एकूय । सोदपाक फकिराक आप्पान ॥१७९॥ थकले इतले यत्न करून । फकीर मेळ्ळोना सोदून पसून । मागीर ते भुकेल्ले जेवले वचून । निरशेले बरेच मनांत ॥१८०॥ पूण तांकां नासलें खबर । सोदचो न्हय कोणाक उपाशीं पोटार । आत्म्याक धादोशी करुनूच मागीर । सरचें भायर सोदपाक ॥१८१॥ ह्याच अर्थाची बाबांची कथाय । दाखयतली ह्या निजतत्वाची सार्थकताय । कित्याक हांगा तिची [2]द्विरुक्तताय । अध्याय तो खबर श्रोत्यांक ॥१८२॥ गुरूगरिमा नांवान एक । फाटल्या अध्यायांत सुरेख कथानक । तातूंत स्वताच्या गुरूची [3]भाक । सांगली स्वमुखान श्रीसाईंनी ॥१८३॥ तेंच सत्य अणभवाक आयलें । आप्पा जेवन जेन्ना भायर सरले । वांगडा इश्ट चित्रेंक घेतले । गेले सहज भोंवपाक ॥१८४॥ थोडी वाट चल्ले उपरांत । पळयलो मुखार एक गृहस्थ । येतना आपल्या फुड्यांत । ताकतिकेन त्या वेळार ॥१८५॥ रावलो तो फुड्यांत येवन । आप्पांनी पळयलो बारीकसाणीन । होच सकाळीं आमचे कडेन । आयिल्लो आसुंये दिसलें तांकां ॥१८६॥ आदीं जाका सोदतालों । होच तो फकीर आसतलो । फोट्यांतल्या चित्राक ज्युस्त जुळटालो । प्रकार हो सगलो अजापीत ॥१८७॥ असो आप्पा विचार करीत । तेन्नाच फकिरान केलो फुडें हात । आप्पान दिलो रुपया हातांत ।

---

१. फकीर रावतात ती सुवात. २. परत उच्चार. ३. वचन.

त्या वेळार ताच्या ॥१८८॥ आनीक मागतकूच आनीक एक । दिलो काडून तिसरोय एक । तरीय तो मागतालो आनीक । अजाप कवतूक फुडेंच ॥१८९॥ चित्र्यां कडेन आसले तीन । आप्पान तेय घेतले मागून । दिले त्या फकिराक काडून । तरीय तो थांबना मागपाचो ॥१९०॥ तेन्ना आप्पान म्हणलें ताका । घरा यो आनीक दितां । ताचेर तो बरें म्हणटा । आनी वता तांचे वांगडा ॥१९१॥ घरांत पावतकूच दिले काडून । आप्पांनी ताका रुपया तीन । जाले णव तरीय अजून । जायना धादोशी फकीर कसोच ॥१९२॥ फुडें आनीक मागतकूच दक्षणा । आप्पान ताका सांगलें तेन्ना । फकत ही नोटूच आतां । उरल्या बाकी म्हजे कडेन ॥१९३॥ मोडीचे सोंपले सगले । आनीक ना कांयच उरले । नोट दी म्हूण फकिरान सांगलें । तशी काडून दिली आप्पांनी ॥१९४॥ नोट जेन्ना ती पडली हातांत । मोड सगली दिली परत । फकिरान मागीर धरली वाट । गेलो आयिल्लो तसोच ॥१९५॥ पळयल्यार हे कथेचो सार । भक्ताचे जशे विचार, उतर । तशे ते घेतलों करून पूर्ण । प्रतिज्ञा ही साचार साईंची ॥१९६॥ श्रोत्यांची आयकुपाची उत्सूकता । पळोवन अशीच आनीक कथा । स्मरली ती सांगतां आतां । आयकात भोव आदरान ॥१९७॥ आसले एक भक्त भावीक । नांव हरिभाऊ कर्णिक । डहाणू गांवचे नागरीक । अनन्य सेवक श्रीसाईंचे ॥१९८॥ एकुणीसशें सतरा वर्स । पळोवन गुरूपुनवेचो दीस । आयले ते शिरडी यात्रेक । ताचें चरित्र सांगतां थोडें ॥१९९॥ यथायोग्य पुजा जाली । दक्षणा वस्त्रां बाबांक ओंपलीं । आज्ञा घेवन देंवतना आयली । कल्पना एक तांच्या मनांत ॥२००॥ दिसलें आनीक एक रुपया । परत वचून बाबांक दिवया । मागीर दिसलें दुसरे फावट येवया । दवरुया रुपया तो तसोच ॥२०१॥ [1]जाणें आज्ञा मेळोवन दिल्ली । ताणेंच वयल्यान कुरू केली । आतां एकदां आज्ञा जाली । लागात

१. माधवराव देशपांडे.

मार्गाक फुडल्या ॥२०२॥ विस्वास दवरून ते खुणेचेर । कर्णिक तशेच गेले मुखार । वचून देंवले नाशीक स्टेशनार । इश्टां वांगडा मार्गांतल्या ॥२०३॥ काळ्या रामाच्या देवळा भितर । कर्णिक गेले दर्शना खातीर । नरसिंग म्हाराज संताचें थंयसर । जालें दर्शन अचकीत ॥२०४॥ भक्त गर्देंत आसतना इतले । म्हाराज अचकीत उठले । कर्णिकाचें मनगट धरलें । रुपया मागपाक लागले आपलो ॥२०५॥ कर्णिक जाले अजापीत । व्हड खोसयेन रुपया दीत । कशे साईय मनोदत्त । रुपया स्विकारतात दिसलें अशें ॥२०६॥ साई स्विकारताले हेंय न्हय सत्य । नासतना पसून ध्यानांत मनांत । बळयां ओडून ते मागीत । जाल्लो तसलोच हो प्रकार ॥२०७॥ मन हें संकल्प विकल्पात्मक । ल्हारांचेर ल्हारां अनेक । भायर पळयल्यार दिसता एक । भितर कल्पना दुसरीच ॥२०८॥ आरंभीं मनांत उठ्ठात ज्यो लहरी । फकत ती सद्वृत्ती आसची बरी । जातली तिचीच पुश्टी जरी । कल्याणकारी एक ती ॥२०९॥ तिचेंच हें आख्यान । दृढ अभ्यास सतत चिंतन । जावंक दिवचें न्हय विस्मरण । राखचें वचन यत्नांनी ॥२१०॥ आप्पासाहेबांच्या फकत मनांत आयिल्लें । फुडें घडये ते विसरतूय आसले । पूण तें रोखडेंच पूर्ण करून घेतलें । दाखयलें अजाप भक्तीचें ॥२११॥ नाय जाल्यार त्या फकिरा कडेन । एकुणीस रुपया हातांत आसून । दिले णवूच कित्याक आप्पा कडेन । आसली आस धांचीच ॥२१२॥ जाका बाबांचो लागलो [१]कर । तो हो णव पुतळ्यांचो हार । [२]नवविधा भक्तीप्रेम दाखोवचे खातीर । स्मरण प्रकार बाबांचो ॥२१३॥ बाबांच्या देहविसर्जनाची कथा । येतली जेन्ना मुखार आतां । कळून येतली आगळी दानता । [३]णव-दान दिल्लें तेन्नाची ॥२१४॥ दिल्लो कायेन वाचेन मनांतल्यान । रुपया एकूच

---

१. हात. २. श्रवण, किर्तन, विष्णुस्मरण, चरणसेवन, अर्चन, वंदन, दास्य, सख्य, आत्मनिवेदन.

३. णव रुपयाचें दान, सौ. लक्ष्मीबाईंक दिल्लें तें.

ते [१]अस्तुरेन । घेतिल्लो भोव खोसयेन । नासले मागूंक आनीक ॥२१५॥ मात स्वताचे घरकान्नीचें देणें । आप्पांच्या मनाक दिसलें उणें । आपूण जाल्यार दिवपाचो धा [२]गुणें । फकिराक त्या तेन्नाच ॥२१६॥ अशें आप्पा जेन्ना उलयले । धा रुपया दितलो म्हणलें । ते जर तांणी दिवंक नासले । उरपाचे ते कायम रिणांत ॥२१७॥ फकीर हो नासलो हेरां भशेन । दारांत येवपी भिकाऱ्या भशेन । हातांत कितेंय पडटा तें घेवन । वतात जे परत ॥२१८॥ जावंक नासले चड दीस । उलयिल्ल्या दिसाच मागपाक येत । पूण ते कोण तरी [३]अपरिचीत । म्हणून दुबावत आप्पा तेन्ना ॥२१९॥ सुरवातीक तांणी मागले जेन्ना । स रुपया आसुनूय तेन्ना । सगले ताका दिलेना । तेच खातीर आप्पांनी ॥२२०॥ आसूं, नासलें जर प्रेम आप्पांचेर । बाबा कित्याक येवपाचे जावन फकीर । दक्षणेचें करूंक नासलें निमीत जर । येवपाचें रसाळपण कथेक कशें ॥२२१॥ आप्पासाहेब फकत निमीत । तुमची आमची एकूच गत । सुरवातीक जरी गोड हेत । प्रसंगार वागताले प्रसंगा प्रमाण ॥२२२॥ आमी सगले उतरांनी तत्पर । दिवपा वेळार दुबाव भरपूर । जीव जाता सकयलवयर । खात्री तर उरता पयसूच ॥२२३॥ तरीय हीत आनी मीत उलयतलो । उलयिल्ले प्रमाण वागतलो । उतर खरें करतलो । पूत हरीचो [४]एखादोच ॥२२४॥ आसूं, जो भक्त अनन्य भावीक । जो जो ज्या ज्या अर्थी कामूक । आसूं [५]ऐहीक वा आमुष्मिक । साई फलदायक समर्थ ॥२२५॥ जरीय हे आप्पासाहेब हुशार । इंग्रजीविद्या पंडीत चतूर । सुरवातीक चाळीस रुपयाच पगार । दिताले तांकां सरकार ॥२२६॥ मात हो फोटू मेळटकूच । हळूहळू वाडत वतकूच । चाळिसां परस चड कितलोसोच । जाल्लो तांचो पगार ॥२२७॥ दितकूच एकाचे धा पटींनी । सत्ता अधिकारूय तितलेच पटींनी । हो तर अणभव बाबांनी । बऱ्याच फावटीं

१. आप्पांचे घरकान्नीन. २. धा पटींनी चड. ३. वळख नाशिल्ले. ४. कोणूय एकलो. ५. इहलोक संबंदाचो.

दाखयिल्लो ॥२२८॥ ते भायर परमार्थाची नदर । वाडीक लागता निश्ठे खातीर । ही किंतें आसा सादी खबर । आगळी कुशळटाय बाबांची ॥२२९॥ फुडें आप्पासाहेबान मागली । बिबूत फकिरान जी दिल्ली । पळयता जाल्यार ती पुडी धाकटुली । पळयली उगडून प्रेमान ॥२३०॥ बिबूत आनी फुलां अक्षता । पुडयेंत ते मेळ्ळीं जेन्ना । तावज करून [1]अतिपुज्यता । बांदली आपल्या हाताक तांणी ॥२३१॥ फुडें बाबांचें घेतना दर्शन । बाबानूच जो दिल्लो काडून । तो केंसूय भोव श्रद्धेन । घालो तांणी त्या तावजांत ॥२३२॥ कितलें ते बिबुतीचें [2]म्हानपण । उदी शंकराचेंय भूशण । कपलाक जो लायतलो भक्तीन । विघ्न निरसन जातलें ताचें ॥२३३॥ तोंड हात पांय न्हावन धुवन । उदी

---

१. व्हड भक्तीन. २. हे बिबुतीच्या म्हानपणाच्यो आनिकूय अनेक देखी रा. हरी सीताराम दीक्षित हांणी बरोवन दवरल्यात. ''पार्ल्याक पंजाब्यांचे चाळींत खिमजी लालजी जोशी ह्या नांवाचो गृहस्थ रावतालो. ताची धूव बऱ्याच दिसां सावन दुयेंत आसली. एका दिसा ती अस्वस्थ जाली. तेन्ना तिची आवय आमच्या घरांत येवन म्हाराजांची बिबूत घेवन गेली. ती बिबूत लायतकूच ते चलयेक रोखडोच थोडो गूण मेळ्ळो. फुडें खिमजी धुवेक आनी घरकान्नीक घेवन शिरडीक गेले. तांची धूव सामकीच फ्राक जाल्ली. तिच्यान चलपाक पसून जायनासलें. हातांपांयांच्यो दोंकल्यो जाल्ल्यो. एका भक्तान तिका उबारून म्हाराजांच्या फुड्यांत व्हरून बसयली. म्हाराजांनी तिका बिबूत लायली आनी आशिर्वाद दिलो. दोन-चार दिसांनी ती स्वता चलपाक लागली. पूण उठ्ठां बसतना तिका त्रास जातालें. मागीर तिणें ते विशीं म्हाराजांक सांगलें. म्हाराजांनी तिका एक फळ खावपाक दिलें आनी तेन्नाच्यान तिची तीय अडचण पयस जाली.

म्हजो एक इश्ट एक दीस म्हज्या कार्यालयांत आयलो आनी म्हणपाक लागलो, ''आयज आठ दीस जाले म्हाका न्हिदूच पडना. वखद चालू आसा, पूण कांयच गूण पडना.'' हावें तांकां म्हाराजांची बिबूत दिली आनी ती तीन दीस घेवपाक सांगली. दुसऱ्याच दिसा ते म्हज्या ऑफिसांत आयले आनी म्हणपाक लागले, ''काल बिबूत घेतली आनी रातभर सुस्त न्हीद पडली.''

तशेंच, वांदऱ्याक रावपी म्हज्या एका इश्टाच्या भुरग्याक दोन म्हयने न्हिदूच पडनासली. ताच्या बापायन ताका शिरडीक म्हाराजांच्या दर्शनाक व्हेलो. तेच रातीं ताका न्हीद पडली आनी तेन्नाच्यान सदांच रातची न्हीद पडपाक लागली.

कपलाक जो लायतलो नेमान । चरणतिर्था वांगडा पान । जातलो तो पुण्यपावन ॥२३४॥ ते भायर हे उदयेचो खास गूण । पियेतकच जातलो पुण्यपावन । जातलें पूर्ण पातक निरसन । सूख समाधान सर्वदा ॥२३५॥ अशें ह्या गोड कथामृताचें समाधान । केलें साईंनी आप्पांक लागून । थंय आमी सोयरे, विना आमंत्रण । आडबरयां जेवप पंगतींत ॥२३६॥ सोयरे वा घरधनी । सगल्यांक एकूच मेजवानी । प्रपंच ना रस आस्वादनीं । स्वानंद भोजनांत जायात तृप्त ॥२३७॥ हेमाड साईचरणांचेर शरण । पुरो आतां हें इतलेंच श्रवण । फुडल्या अध्यायांत जातलें कथन । आनिकूय चड महिमान उदयेचें ॥२३८॥ उदी लावप, साई दर्शन । हाडांच्या रोगाचें समूळ निरसन । ग्रंथीजोर [१]कांतीचोय रोग निवारण । लक्ष दिवन आयकात ॥२३९॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । उदी प्रभाव नांवाचो हो तेत्तिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

---

१. नारू.